चियर्स
अभयकुमार वेलींगकार

चियर्स

अभयकुमार वेलींगकार

शणै प्रकाशन
वेलींग

चियर्स

(कोंकणी काव्यझेलो)

अभयकुमार वेलींगकार

Cheers

(A Konkani Poems)

by : **Abhaykumar Velingkar**

सगळे हक्क : **प्रियागा वेलींगकार**

उजवाडावपी :
शणै प्रकाशन
वेलींग – म्हाड्डोळ,
गोंय 403404

पयली उजवाडावणी : **जानेवारी 2020**

प्रकाशन क्रमांक : **59**

अक्षरजुळणी :
अतुल र. पंडित,
9623269013

छापपी : **रिया ग्राफीक्स**
पोरणें गोंय – 403 402
मोबायल : 9881409237

मुखचित्र :
सिया अतुल पंडित

मोल: रु. 100/–

ISBN : 81- 86390- 17- 0

हांसरें म्हजें तोंड
मन कोणें पळेलां
अमृता वांगडाच
विखूय पियेलां.

- **अभयकुमार**

'चियर्सा'क चियर्स

अभयकुमार वेलींगकार हो फाटलीं कितलिंशींच वर्सां सावन बरयता. ताणें कवितेचे वेगवेगळे प्रकार हाताळ्ळ्यात. ताणें गद्य लेखनूय विपूल प्रमाणांत केलां; हातूंत कथा, निबंद, सामाजीक-राजकीय विशया वयले लेख अशें जायतें कितें आस्पावता. ते नदरेन तो एक सिद्धहस्त लेखक.

आमचे दिसपट्टे जिणेक लागू जातल्या खंयच्याय विशयाचेर तो बरोवंक शकता-बरयता. तुर्ताक म्हजे मुखार तागेलें जें पुस्तक आसा तें म्हणल्यार चियर्स. खोस, आनंद, उमाळ्यांनी भरिल्ले खीण जेन्ना येतात तेन्ना इंग्लिशींतल्यान पोसकें घेतिल्लें चियर्स हें उतर आमी मोटे उमेदीन वापरतात, भरिल्लीं कोपां एकामेकांचो उमो घेतात. हालींच्या म्हानाक तर आमगेली तरणाटी पिळगी खुशालकाय मनोवपाक चियर्सचोच आदार घेतात. जेन्ना मधुप्राशनाचो प्रसंग आसता तेन्ना तर चियर्सा बगर दुसरें उतर तोंडारच येना. अभयकुमारालीं चियर्स हांतलीं कवनुलां हीं अशींच हलक्या-फुलक्या खिणाक फुडो करीत वाट चलतात. सोरो, गादी, बार, पेग, कोप ह्या उतरां भोंवतर्णींच हे चियर्स घुंवत आसतात आनी तें सभाविकूय आसा.

बरोवपी वा कवी हो संवसार जिणेचो चित्रकार. ताका जें दिसता, जें

जाणवता वा जें अणभवाक येता तें तें सगळें शब्दांत गुंथप हो ताचो धर्मच. खासा आपूण अलिप्त रावन दुसऱ्यांच्यो जाणविकायो आनी अणभव आपणाले अशे करून ते संवसारा मुखार दवरप कवी वा लेखकाचें कामच. अभयकुमारान चियर्सांत होच मार्ग आपणायला अशेंच हांव म्हणन. अशें तरेचें बरप करप, दुसऱ्याले अणभव आपणालेच कशे करून बरोवप ही एक वेगळीच कलात्मकताय.

डॉ. हरिवंशराय बच्चन हांची फाकीवंत मधुशाला वा मधुबाला हो अशेच तरेचो प्रकार. डॉ. बच्चनाची मधुशाला जेन्ना उजवाडाक आयली तेन्ना तांचेर सुरांटेपणाचे आरोप जाले. कांय जाणांनी बरयलें लेगीत - सुरांटेपणाचो खासा स्वता अणभव घेतले उपरांतूच डॉ. बच्चनान हें काव्य जल्माक घालां. अर्थांत हें सत्याक धरून नासलें. हाचे उरफाटें पियेत पियेत ते धुंदेंतच बरयत रावपी अशे लिखणी बहाद्दरय जावन गेल्यात. उर्दू शेरोशायरींत जाका एक नांव आसा असो नरेशकुमार 'शांद' नांवाचो एक शायर जावन गेलो. तो सोरो घोंटींत घोंटीतच बरयतालो आनी शेकीं पिरायवंत जावचे पयलींच पियेत पियेत सोऱ्याची आळवणी करीतच मेलो. उर्दू गजलचो शहेनशा गालिब हांचे सोऱ्या बगर जायना आसलें. पूण ते संबंदांत तांचें स्वताचेर खूब नियंत्रण आसलें. सोरो पियेलो, शायरी बरयली तरी तो वेव्हार विसरनासलो.

उर्दूंत सोऱ्याचेर जितले शेर मेळटात तितले आनीक खंयचेच भारतीय भाशेंत कोणें बरयल्यात अशें म्हाका दिसना. उर्दूंत जांणी सोऱ्याचेर शेरोशायरी केली, ते सगळेच शायर पियेवपी नासले. कांय जाण पियेताले जाल्यार बरेच जाण सोऱ्याक हात लेगीत लावन नकळो आशिल्ले. तरी आसतना केवळ सोऱ्याचेच भोंवतर्णी घुंवत रावपी मयखाना (सोऱ्या मांड) सारकीं पुस्तकां उर्दूंत निर्माण जाल्यांत. अभयकुमाराचे चियर्स म्हाका दिसता ते नदरेंत कोंकणींत तरी पयलेंच. कोंकणींत सोऱ्याचेर कांय

जाणांनी गजलच्या मोगांत पडून शेर रचल्यात, ना अशें न्हय.

चियर्सातलीं कवनुलां म्हणल्यार शेर न्हय. चडशीं कवनुलां ल्हान ल्हान चार ओळींचीं. कांय कवनुलां सरळ सोऱ्याची गजाल करिनात. तरीपूण थोडींशी पयसुल्ल्यान सोरो हुंगून ताचो वास घेतात.

चियर्स हो कोंकणींतलो एक नवो प्रयोग. कोणूय म्हणूंक शकता-बरोवन बरोवन आतां अभयकुमार सोऱ्याचे फाटीक लागला. लेखक वा कवी केन्ना कसल्या विशया फाटल्यान लागत हें सांगूक जायना. अभयकुमारान जे अणभव आपणाले करून चियर्सांत उक्तायल्यात ते मुजरत वाचून पळोवपा सारके इतलेंच हांव म्हणन.

एकदां घेतकूच
कित्याक भियेवपाचें
ताचें कामूच तुका
उंचायेर व्हरपाचें

अशें अभयकुमार म्हणटा तेन्ना ताच्या म्हणण्या प्रमाण उंचायेर चडून वचपाक तुमी तें कोप हातांत घेवन पियेवपाकच जाय अशें ना. गोंयांत सोऱ्याक मुक्तद्वार आसा. उंचायेर चडून वचपाचे अणभव स्वता कोप ओंठांक लायना आसतनाय तुमकां खंयूय भेटूंक शकतात.

– नागेश करमली
मानसदीप
चिंचवाडो, चिंबल
रायबंदर – 403006

सरकार एक गादयेर आयलें
आनी गादयेचें जालें बार
गांव आसूं वा आसूं शार
घरा शेजरा मेळटा बार

■■■

वर्सांतल्यान एकदांच येतालो शिगमो
घेवन वांगडा बोबो हुयेली
आतां दर दिसा करतात ते होळी
आनी 'बारकार' मनयतात दिवाळी

■■■

मंदिर मशिदीचो वाद तुमचो
अयोध्याकूच उरूं दी
येयात आमच्या गोंयांत
कोपाक कोप मेळूं दी–चियर्स

■■■

पूजा–आरती, राम–नाम
बसात देवळांत खीण चार
सोंपली आरत तर उठात
रावलां तुमचे खातीर बार

■■■

जाती काय समता जाय
बेठोच वाद चलता
बारांत नदर मारून वचात
मेळटली खरी समता

■■■

हें सरकार जालां एक बार
कोणेंय सरचें भितर खीण चार
पियेत रावचें भरभरून कोपां
करचें कल्याण पिळग्यां चार

■■■

तुवें जर केलीच ना
केन्ना सोऱ्याची नशा
नशेचे रंग विविध
कशे कळटले रे पिशा

■■■

सोऱ्यान खंय सांगलां तुमकां
आपल्या फाटल्यान यो
तुमीच ताका घोट्टात
आनी करतात शो

■■■

कोणाक खोशी मानवता
कोणाक दुख्ख मानवता
त्याच निमतान तरी
इल्लें घेवंक मेळटा

■■■

दर एका घराची
वेगळी वळख आसता
दर एका सोऱ्याचो
वास वेगळो आसता

■■■

अशेय लोक आसतात
जांकां,
मोगांत मेळटा सूख
आमची मात वेगळीच भूक

■■■

एकूच हो पेग
कोणाकोणाक पावतलो
दर एकलो जीब
हुळहुळायत उरतलो

■■■

हांव बायलेचेर
केन्नाच तापना
सोरो पोटांत वतकूच
म्हजे म्हाकाच वळखना

■■■

ओगीच ही कागाळ
आनी ओगीच हो शीण
एकदांच मारिल्लो उलो
तर विण्टाली आमची जीण

■■■

कितें सांगतात तुमी
हांगा जगप कठीण
बरे लोकूच मरतात बेगीन
उरतात हांगा फटींग

■■■

आमी कांट्यांकूय
दितात मान
वायट दिसता पळोवन
हे मस्तितात फुलां सान

■■■



खरें सांगतात सगळे
सोरो म्हळ्यार वीख
पूण एकदां चडटकूच
कोण हांकां घालता भीक

■■■

ताणें आयज घेतलो
देवाचो सोपूत
आयकून मजा आयली
घेवन सांगतां सोपूत

■■■

फुटिल्ल्या हारशांत
दिसतात कितलिंशींच तोंडां
दर एका फुटपा फाटल्यान
तुटून वतात मनां

■■■

नशे बगर रावंक जायना
मन हें तुटलां
सोरो नासल्यार वीख दी
मरणूय लांबलां

■■■

सत्संगाक वचून जर
सुखी जाल्लीं मनां
कोण कित्याक चडटालो
गादयेचीं सोंपणां

■■■

सपनां कितलीं पळेलीं
उडून गेलीं वाऱ्यान
पावसान जी मेळटा मजा
तीच मेळटा सोऱ्यान

■■■

पियेल्यार मनीस मरता
तरी पियेत रावता
पिये नाशिल्ल्याक तरी
मरण खंय सोडटा

■■■

भर तूं कोप आनी
राजावरी पिये
दोन दीस सुखाचे
हांसत-खेळत जिये

■■■



कोण म्हणटा
सोरो पिल्यार बेगीन सोंपता
बारांत येवन पळयात
म्हातारे लेगीत तरणे जातात

■■■

तांच्या मतान
सोरो पियेवन अपघात घडटा
तांकां खंय खबर
पियेवप ह्योच एक अपघात आसता

■■■

आमच्या दोळ्यांनी पळे
संवसार सुंदर दिसतलो
आमचे नदरेन पळेल्यार
तोंडार हांसो फुलतलो

■■■

दुस्वास सगळो कुशीक दवरून
तानेल्ल्याक उदक दी
उदक दिवंक ना जाल्यार
सोरो इल्लो दी

■■■

खबर आसूंक जाय तांकां
जे खिणांत मारतात फट
सत सगळें जिबेर येतलें
वतांच, पोटांत सोऱ्या घोंट

■■■

देवाक हांवें देवार सोडून
हांव कुशीक सरलों
देवान म्हाका सोडून म्हजेर
नकळो खंय गेलो

■■■

केन्ना केन्ना नदर म्हजी
म्हाकाच वळखना
केन्ना म्हज्या स्वातंत्र्याक
मन मान दिना

■■■

म्हज्या जगपाक
एक आदार आसा
मेळूं कितलेंय दुख्ख
विसरूंक सोरो आसा

■■■



आमी आमच्या दुख्खाकूच
वेंगावन बसपाचें
सोरो नासलो जाल्यार
मरून वचपाचें

■■■

आमी आमचे मर्दींच
घालून बसल्या वंय
आनी हेरांक विचारतात
आसा रे तूं खंय

■■■

उगत्या मनान उलोवपी
अजून म्हाका मेळ्ूंक ना
वाट पळेतां केन्ना येतलो
अजून तो येवंक ना

■■■

अपेसान खचून थोडे
जीव वगडायतात
कांय जाण विखाजाग्यार
सोरो आपणायतात

■■■

आमी, तुमी, सगळे
ताच्या आधीन जाल्यात
तो व्हांवता, आनी
आमी व्हांवत गेल्यात

■■■

जेन्ना घरूच पेटून उठ्ठा
उजवाडाकूय,
मन भियेता
तोच तेन्ना थाकाय दिता

■■■

कळटा जेन्ना
जिविताचें सार
दोळयां मुखार
उबें रावता बार

■■■

जेन्ना जिविताचें सत कळ्ळें
खरेंच सांगतां
हातांतलें कोपूच गळ्ळें

■■■

हें ना, तें ना च्या
पिकासांवांत रावलों
सगळें म्हऱ्यांत आयलें
तेन्ना हांवूच जाग्यार नासलों

■■■

सत दाखोवन दिवपी
फकत दोग
एक हारसो
आनी दुसरो सोरो

■■■

पिकासांव आसूं, खोशी आसूं
उपाय एकूच
सगळें विसरावपा खातीर
घेवचें कोपूच

■■■

सूख सूख सोदीत
हांगा थंय भोंवतां
म्हज्यांत सगळें आसा
ताकाच कितें सोदता

■■■

सर्ग म्हळ्यार वेगळें कितें
हांगाच पळोवपाचो
दोन घोंट पोटांत वतांच
मुखार दिसपाचो

■■■

बारांतली भास
बारांतूच उरची
घरा पावतांच
सभ्यताय येवंची

■■■

ताका सोडपाचो
जायतो यत्न केलो
पूण वेळ आयलो की
पांय थंयच वळ्ळो

■■■

वतान चलतल्याक
सावळेची गरज
ओंठ सुकिल्ल्याक
कोपाची गरज

■■■

ते सोऱ्याक फकत
दुशणां दितात
दर एके गजालीचेर
तकली तापयतात

■■■

ते वाट पळेतात
केन्ना वतलो सोमार सोंपून
सोऱ्याविणे,
ओंठ गेल्यात सुकून

■■■

बाराचें नांव सांगल्यार
सगळेच वळखतात
घरचो पत्तो सोदूंक
दीस वगडायतात

■■■

नदरेक येतात
बारांच बारां
बारांच जाल्यांत चड
खूब थोडीं घरां

■■■

जिवीत आमकां
आपशींच मेळ्ळें
मरण मात
आमी मागून हाडलें

■■■

तांच्याच नशिबांत
सगळीं सुखां
कोपाच्या नेटार
जे विसरतात दुख्खां

■■■

येवं दी कितलेय कठीण प्रसंग
पर्वा ना
तुज्या सांगातान
कसलीच याद उरना

■■■

दुख्खांतूय सूख मेळटा
दुकांतूय खोशी मेळटा
आसल्यार पुरो तूं हातांत
सगळेंच बदलून वता

■■■

करात कसलेय उपकार
कोण वळखना
पूण घेतिल्ल्या कोपाक
कोण विसरना

■■■

स्वताचेरूच जे
विस्वास दवरचे नात
वाटेवेले फातर
वाट दिवचे नात

■■■



रेंव रगडपाचे यत्न
चालूच आसा
तेल नासल्यार सोरो
गळपाची आस्त आसा

■■■

म्हजे उपरांत सगळेच
याद म्हजी काडटले
म्हजे खातीर दोन थेंबे
वाऱ्यार उडयतले

■■■

कालच्याकूय आज जर
जालो ना बरो
एक दीस तुवें
वगडायलो खरो

■■■

नशिबांत आसप
ही देवाचीच देण
दोन घोंट गेल्यार पोटांत
आमीय खोशी कांय खीण

■■■

तो हांवूच जावन
म्हज्यांत रावता
तरी लेगीत हांव
तानेल्लोच उरतां

■■■

पार्टेत इल्लीं म्हजे कडेन
पिशेपणां जालीं
मळबांतलीं नकेत्रां
जमनीरूच दिसलीं

■■■

येतलीं दुख्खां म्हणून
भियेवन बसूं नाका
फूंक मारूंक आसा सोरो
विसरूं नाका

■■■

स्वार्थ्यांचे गर्दींत
हांवूच म्हाका मेळ्ळों ना
सोदलीं सगळीं बारां
हाताक गावलों ना

■■■

रात पळेतलों म्हूण
हांतरूणांत सरलों
दोळे उगडले तर
उजवाडांत आसलों

■■■

ते दुस्मानावरी वागतात
वागूं दी
ते उज्या बगर जळटात
जळूं दी

■■■

काळोख केलो तरी
रात, रातूच उरता
हांतरूण घालें दिसाचें
म्हूण कितें फरक पडटा?

■■■

एकदां घेतकूच
कित्याक भियेवपाचें
ताचें कामूच तुका
उंचायेर व्हरपाचें

■■■

ते म्हणटात,
सांबाळात मनाचो हारसो
पूण आमकां मेळ्ळा
कोपाचो वारसो

■■■

उज्या परस मोग
बेगीन पेट्टा
हात भाजून घेतले
की आपशींच सुट्टा

■■■

वांगडा बसलोना मारूंक कोप
इश्टागत तुट्टली
घे रे दोनूच घोंट
गांठ आपशींच सुट्टली

■■■

इश्टांनो, तांचेय खातीर
दोन दुकां गळयात
जे कोपांत बुडल्यात
तांचें दुख्ख समजून घेयात

■■■

म्हाका दिसना,
अशें एक कोप आसत
जें आजवेर पियेल्ल्या
सोऱ्याचो हिशोब सांगत

■■■

हांगा दर एके तरेचो
रंग नदरेक येता
पियेतल्याक फकत
सोऱ्याचोच रंग दिसता

■■■

अक्क्ल नाशिल्लेवरी
अशे कित्याक जगतात
येवन पळयात गादयेर
कोण कशे वागतात

■■■

तुमच्यो खबरो आयकून
जगपांत कसली मजा
पियेल्यारूच कळटली
पियेवपांतली मजा

■■■

संवसाराच्या बाजारांत
निर्शेलो खीण दोन खीण
सोऱ्यान देंवयलो
सगळो ताचो शीण

■■■

जिवीत म्हळ्यार
दुकांचोच पेलो
कांय जाण पियेले
कांय गादयेर मेले

■■■

मरपा खातीर घडये
उपाय आसा
पूण जगपा खातीर
सोऱ्या बगर किते आसा

■■■

गडबड बोवाळ जालो
समजात सकाळ जाली
केंस मेकळे जाले
समजात रात जाली

■■■

सगळेच म्हण्टात
सोऱ्याक हराम
पूण कोण सांगतलो
खंय आसा राम

■■■

जिवीत म्हळ्यार खरें सांगतां
एक अपघात
मरण लेगीत करूंक शकना
ताचो घात

■■■

रातभर जळटा
मरता, नाच जाता,
हेरांक उजवाड दीत
वात जळून वता

■■■

वा रे शाबास,
हाकाच नशीब म्हण्टात
रस्त्यार उरतात ते फातर
शेंदूर लायता ते देव जातात

■■■

सोरो, कोप, गादी
मन म्हजें रमना
तूं म्हन्यांत येतकूच
मन कोणाक आयकना

■■■

तुजे नदरेंतल्या उज्याचो
दिसता म्हाका भंय
हांव कोप उबारतां
तेन्नाच तूं पावता थंय

■■■

हारसो, कित्याक कळना
म्हाकाच पळेता
म्हाका मात हारशांत
तूंच नदरेक येता

■■■

मानून घेवया,
झाडांकूय जीव आसता
मागीर झाड फळटना
आवाज खंय जाता?

■■■

आसूं कोणूय गरीब कितलोय
सोऱ्या बगर जायना
जेवण आसूं नासूं तांकां
ताचें पडलेंच ना

■■■

आतां म्हजे वाटेक
कोणूच वचनात
सोऱ्या मुखार कोणाचेंच
कांय चलना

■■■

जें घडपाचें आसा
तेंच घडटलें
घरचे मात
कोपा नांवान रडटले

■■■

आजवेर हांवें
ताकाच देव मानलो
देखुनूच ताचेर
मना सावन मोग केलो

■■■

कोपाक कित्याक चडना
जर आसता सोऱ्यांत नशा
चिंतून पळे इश्टा,
तुजेंच कितें चुकलां पिशा

■■■

पावला पावलाचेर जेन्ना
नदरेक पडटा बार
तुमीच सांगात पळोवया
जिवाक कसो मेळत थार

■■■

हो मनाचो खेळ
काय नदरेचो दोश
सगळ्याक कोपूच दिसता
मन जाता खूश

■■■

कोणाचेर मोग केलो
कोणाक मन दिलें
म्हाका,
दुख्खा बगर कितें मेळ्ळें ?

■■■

जर पियेशी
मळबांत उडशी
नासल्यार जिवीतभर
मातयेंतूच उरशी

■■■

आमचे राशीक केन्ना
उजवाडूच आयलो ना
मन जळयलें तरी
उजवाड मेळ्ळो ना

■■■

तुज्या फटींगपणाचेरूय
हांव मन ओततां
मन दुखता तेन्ना
भितरले भितर रडटां

■■■

म्हाका,
नशिबाचें म्हत्व कळ्ळां
भर पावसांत
म्हजें मन जळ्ळां

■■■

ताच्या दोळ्यांतल्यान
जायतें उदक व्हांवलें
तरी मन त्या,
शराबी दोळ्यांतूच बुडलें

■■■

विचारूं नाका म्हाका
कितलें तूं पियेला
ताचो हिशोब,
हांवें खंय दवरला

■■■

तांच्या पोल्यां वयल्यान व्हांवपी
दुकां देखलीं
म्हजीं दुकां हांवें
कोपांत मोखलीं

■■■

बारांत वचून
दुख्ख सगळें विसरलों
घरा पावतांच
घरकान्नीन रडयलो

■■■

जितलें म्हणून कोडू
बेगीन विसरपाचें
गोड यादींनी
घुस्पून रावपाचें

■■■

तुका सोडचो म्हूण
दोतोरागेर गेलों
ताच्या वखदांनीय
तूंच मेळ्ळो

■■■

आयकल्लें,
तुज्यांतूच सगळें सूख मेळटा
कितें खरें, कितें फट
आतां कळटा

■■■

मेले बगर खंय
सर्ग दिसना,
दोन पेग घेयात
सर्ग वेगळो आसना

■■■

देऊळ मशिदी
तांचीं व्यसनां
आमी मात
सोऱ्या मुखार वचना

■■■

जुवानी,
मनशाक पिसायता
वय कितलेंय आसूं
नदर फटयता

■■■

तांणी हात-पांय मारले
तरीय हांव बुडलों
तांणी म्हळें,
हाका सोरो चडलो

■■■

पाख्याच्या मरणाचेर
वात करिना शोक
दर एकान भोगपाचे
आपआपले भोग

■■■

सोऱ्या नेटार
जायतो तरलों
नशिबा मुखार
निमणें हारलों

■■■

कितलोय काडात त्रास
कांय जावचें ना
नशिबाची नासल्यार साथ
कांयच गावचें ना

■■■

पियेवप हो गुन्यांव
तर तो करतात कित्याक
आनी तो गुन्यांव न्हय
तर लिपून पियेतात कित्याक

■■■

फुलांच वेंचून दिलीं
हांवें तांचे खातीर
तांणी तांतले कांटे
वेंचून दवरले म्हजे खातीर

■■■

केन्ना तरी ओंठार
हांसो दिसतलो
कोण तरी विचारपी
तुका मेळटलो

■■■

खरें तर उपकाराचें
वजें खूब जाता
उपकाराचें फळ
अपकारान मेळटा

■■■

कितलीं गेलीं वर्सां
संवय सुटच ना
गुन्यांव हाका म्हणपाचो
म्हाका कळच ना

■■■

बारांनी पांय दिवंक
जे थर्त भियेतात
पबाचीं सोंपणां
तांचे खातीरूच आसतात

■■■

दर गजालींचो संबंद
ते पियेवपा कडेन लायतात
हांव तर विसरूनूय गेलों
तेच याद करून दितात

■■■

नजो आसतनाय जे
तुमचे फाटल्यान येतले
लक्षांत दवरात खात्रीन
ते तानेल्लेच आसतले

■■■

खऱ्यांनीच ताचे इतलो इमानी
दुसरो कोण मेळचो ना
एकदांच ताका ओंठांक लायात
केन्नाच साथ सोडचो ना

■■■

तुवें फुलाचेर मोग केलो
हांवें कांट्याक आपणायलो
फूल गेलें बावून रोखडेंच
कांटो सासणाचो उरलो

■■■

कोण कितें सांगता तें
आयकूंक कोणाक वेळ आसा?
आमी आमच्या कोपांत गुल्ल
तुमी थंय सांगत बसा

■■■

सोंपिल्ल्या वर्सांनो
म्हाका विचारतात कितें केलें
खुशालभरीत जगलों जिवीत
मनांत आयलें तेंच केलें

■■■

जे चलतात, उठ्ठात, पडटात
तेच जिते आसतात
मेल्ले खंय
हालचाल करतात

■■■

उपाशांक जेवण दिवंक
आमकां परवडना
तानेल्ल्याक सोरो घालूंक
आमी फार्टी रावनात

■■■

सगळ्यां खातीर सगळें केलें
कोणूच म्हज्यांत रावलो ना
लागीं केलो सोऱ्याक
ताणें केन्नाच सोडलो ना

■■■

केंस जरी पिकले
अजून शाणपण येना
बरो काय वायट जिवाक
सोरो, अजून कळना

■■■

लोकांची धुर्णीं आमी
हांगाच सायबा धुवचीं
आपलीं आसूं कितलींय म्हेळीं
लिपोवन दवरचीं

■■■

वोगीच तें म्हणपाचें
कितें करून घेतल्या रे दशा?
ताका तर चडल्या नशा

■■■

कोणें सांगलें पिशा
सोऱ्याचीच चडटा म्हणून नशा?
पुस्तकांनी घुसशी तर
तीच जातली दशा

■■■

आज हांव पावसांत
नाच नाच नाचलों
हांव जरी चिंब वलो ताकाय भिजयलो
पळेतल्यांनी मात म्हणलें, हाका चडलो.

■■■

काळीज हें जोगूल कशें
हेरांक जळयता
तांचो गोबोर करीत करीत
आपुणूय लासून वता

■■■

पळे तो पिसो कसो
म्हाका भिजयता
आनी हांव भिजचो म्हण
आपूण सोपून वता

■■■

सोऱ्याची ह्या वेगळीच तरा
बडबड्यांक न्हिवयता
आनी थंड रावपी
उलयता भराभरा

■■■

वोगीच करतात ताची चूक
तुमकांच मगा ताची भूक
म्हणटात ताच्यांत आसा नशा
ताका केन्ना लकतना पळयला पिशा?

■■■

तो आपल्या धर्मान वागता
घेवपी आपल्या उतराक जागता
तुमचीं पिशेपणां तुमचे कडेन
ताका तीं खंय लागता?

■■■

उदकांत घालात, सोडांत घालात
तो मिसळून रावता
विविधतेंत एकता
ताच्यांतूच मेळटा

■■■

कोप म्हाका
मात्तूय मानवना
पूण ताचे बगर
इश्ट गावना

■■■

काराथ्याक कोडू
बेश्टेंच म्हणपाचें
जिबे इतलें कोडू कितें
कोणें सांगपाचें?

■■■

दर दिसा चिततां हांव
कोणाक मेळचों ना
पूण दारा वयली बॅल
वोगी रावच ना

■■■

आसता सभाव एकेकाचो
कितें ताका करचें?
विसरून वचचें सगळें
आनी काम करीत रावचें

■■■

येतलें फाल्यां केन्ना तरी
वाट पळेत रावलों
दर दिसा जागलों तेन्ना
आज पळेत उरलों

■■■

कळना कशे मानचे
कोणाचे दिनवास
म्हज्या काळजांत सदांच
इश्टांचो वास

■■■

सोपूत घेतात थंयच
फटी मारतात
नशेंत मात सगळें
सत जिबेर येता

■■■

रातची खबर राती खातीर
सकाळीं विसरपाची
कोपा नेटार देखिल्लीं सपनां
कोपा वांगडाच निवळपाचीं

■■■

म्हणलें कोणेंय कितेंय
तरी हांव भाग्यवान
आयलों कसोय घरा तरी
उगडटा दार घरकान्न

■■■

यो रे मात्शे बसुंया
म्हणपी आसात जायते
आयलें फाल्यां संकट तर
आसत काय वांगडा ते?

■■■



अभयकुमार वेलींगकार हे फाटर्ली कितलिंशींच वर्सां नेमान साहित्य बरयतात. तांणी कवितेचे वेगवेगळे प्रकार हाताळ्ळ्यात. गद्य लेखनय तांणी विपूल प्रमाणांत केलां; हातूंत कथा, निबंद, नाटक, एकांकी, समाजीक-राजकी विशया वयले लेख हांचो आस्पाव आसा. एक सिद्धहस्त लेखक म्हणून तांची नामना आसा. आमचे दिसपट्टे जिणे कडेन संबंदीत खंयच्याय विशयाचेर ते बरोवंक शकतात. 'राष्ट्रमत', 'सुनापरान्त' ह्या वर्तमानपत्रांनी तांणी जायतें लेखन केलां. सध्या 'भांगरभूंय' ह्या वर्तमानपत्राचेर ते वेगवेगळ्या विशयाचेर नेमान बरयतात.

आयजवेर तांचे दोन कवितां संग्रह, एक कथा संग्रह आनी दोन नवलिका उजवाडा आयल्यात. तांणी बालसाहित्यूय बरयलां. बालसाहित्याचीं तांचीं आतां मेरेन 25 पुस्तकां प्रकाशीत जाल्यांत. जातूंत 8 काणयां झेले, 6 कवितां झेले, 8 चरित्रां आनी 3 अणकार अशे साहित्य प्रकार आस्पावतात. तांणी बरयल्ल्या 'इंग्लिशींतल्यान कोंकणी शिकात' ह्या स्वयंशिक्षकाचो जायत्या गोंयां भायल्या कोंकणी शिकपी विद्यार्थ्यांक लाव जाला.

'दीस उदेतकूच यो' ह्या तांच्या कविता संग्रहाक कोंकणी भाशा मंडळाचो 1989 वर्साचो आनी 'कंवच्यो' ह्या कथा संग्रहाक कोंकणी भाशा मंडळाचो 1990 वर्साचो पुरस्कार लाबला. तशेंच कोंकणी भाशा मंडळाचो 2019 वर्साचो चंद्रकांत केणी यादस्तीक स्तंभलेखन पुरस्कार मेळोवपाचो मानय तांकां फावो जाला.

शणै प्रकाशन
वेलींग

ISBN : 81- 86390- 17- 0

मोल : 100/-